## **योग मनशाच्या जीणेची दिनचर्या जावची- मुख्यमंत्री**

ता. 21 जून 2022

योग मानवता आनी भलायके खातीर आसा. शारीरिक आनी मानसीक भलायकेखातीर योग आनी आसनांचो सराव म्हत्वाचो आसा, जे वरवीं शरीर आनी मनाचेर ताबो मेळोवपाक मदत जात, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें आनी निरोगी जीणेखातीर युवा पिळगेंन वर्साचे 365 दीस नेमान योग करपाचो उलो मारलो.

मुख्यमंत्री आयज भलायकी सेवा संचालनालयान खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालय आनी शिक्षण संचालनालयाच्या जोड पालवान डॉ. श्यामा प्रसाद मुखर्जी इंडोर स्टेडियम, ताळगांव हांगा आयोजीत आंतरराष्ट्रीय योग दीस कार्यक्रमात उलयताले.

फुडें उलयताना मुख्यमंत्र्यान म्हणलें, प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी आठ वर्सा फाटी भारतात आंतरराष्ट्रीय योग दीस मनोवपाचो निर्णय घेतलो. आंतरराष्ट्रीय योग दिसाची सुरवात जायत सावन योगाक भरपूर वळख मेळ्ळी. देशातल्या आनी जगातल्या लोकांक योगाचे म्हत्व आयज पटला आनी संवसारातल्या 170 देशांनी योग करतात. संवसारांत भारत आंतरराष्ट्रीय योग दिसाचे फुडारपण करता, अशें तांणी सांगलें.

गोंयांतय लोकांक योगाचे म्हत्व पटोवन दिवपा खातीर गोंयभर आंतरराष्ट्रीय योग दिसाचे आयोजन करतात , अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

आंतरराष्ट्रीय योग दीस कार्यक्रमाक मुख्य सचीव श्री. पुनीत कुमार गोयल, भलायकी सचीव श्री. वाय. व्ही. व्ही. जे. राजशेखर, खेळां सचीव श्री. अजीत रॉय, उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी मामू हागे, नगर विकास सचीव रमेश वर्मा, गृह खात्याचे विशेश सचीव संजीव गडकर, हेर सरकारी सचीव आनी अधिकारी , शिक्षक आनी विद्यार्थी उपस्थित आशिल्लें.

भलायकी संचालक डॉ. गीता काकोडकर हांणी येवकाराच्या उलोवपात निरोगी आनी यशस्वी जीणेखातीर विद्यार्थ्यांनी नेमान योग करपाचो सल्लो दिलो.

आर्ट ऑफ लिविंग फाउंडेशनाच्यो योग शिक्षीका अनिता रायकर हांच्या मार्गदर्शनाखाला मुख्यमंत्री, हेर मानेस्त, अधिकारी, शिक्षक आनी विद्यार्थ्यांनी योगासनां आनी प्राणायम केलो.

डॉ. आदित्य आनी डॉ. इंदिरा हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले. भलायकी सेवा संचालनालयाच्या आयुष विभागाचे उपसंचालक डॉ. मिनल जोशी हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/433

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji